**कसभा प्रचार टप्पो-7 १०५**

**लोकसभेच्या सातव्या पांवड्यावेल्या वैचणूकेक तीन दीस बाकी आसतना प्रचार लैंगशेर पावला. सातव्या पांवड्यार एकूण आठ राज्यां आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी लोकसभेच्या ५७ सुवातांखातीर मतदान जातले. ह्या पांवड्यार एकूण ९०४ उमेदवार वैचणूक रिंगणांत आसात. तातूंत उत्तर प्रदेश आनी पंजाबांत १३. अस्तंत बंगालांत ९. विहारांत ८. ओडिशात ६, हिमाचल प्रदेशांत ४. झारखंडांत ३. जाल्यार चंदिगढांत एके सुवातैखातीर मतदान जातले. सातव्या पांवड्यार वजनदार उमेदवारांमदीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, भाजपाच्यो कंगना रानावत, कॉंग्रेसीचे अजय राय, तशेच नॅशनल कॉन्फरन्स पक्षाचे फुडारी ओमर अब्दुल्ला हांचो आसपाव आसा. आतांमेरेन पयल्या पांच पांवड्यांनी सरासरी 65 टक्क्यांच्या म्हज्यान मतदान जाला. चवथ्या पांवड्यार सगल्यांत चड ६९ टक्के इतलें मतदान जालां. सगल्या सातूय पांवड्यांची मतमेजणी एकठांय ४ जूनाक जातली.**

**डीजीपी सोशल पोस्ट १२०**

**समाज माध्यमांचेर लोकांच्यो धर्मिक भावना दुखावपी पोस्ट घालतल्यांक गोंयचे पोलीस म्हासंचालक जसपाल सिंग हाणी शिटकावणी ट्विटर ॲक्सार दिल्या. समाज माध्यम है सुसंस्कृत समाजाचे म्हायती वा ज्ञान पातळावपाचे, तशेच सुसंवाद घडोवन हाडपाखातीर सुरु केल्लें डिजिटल माध्यम आसा. तेवरवीं भावना दुखावपी गजाली करून ते अ-समाजीक करचें कन्ही. एखादी व्यक्ती, गट, जात-पंथ वा धर्माविशीं भावना दुखावपी गजाली पातळावच्यो न्ही. एका-मेकाचो आदर राखपाक शिकात. समाजीक द्वेश. दुस्वास पातळांवनाकात. असो कळकळीचो उलो पोलीस म्हासंचालक जलपाल सिंग हाणी ही शिटकावणी दितना भौसाक मारला. दिवचले आनी फातर्प्या हालींच समाजमाध्यमांचेर केल्ल्या पोस्टांवरवी**

अशो धर्मिक भावना दुखावपी गजाली घडल्यात. पुलिसांनी अशे पोस्ट घालतल्यांचेर कारवायूय केल्या. पोलीस म्हासंचालक जलपाल सिंग हाणी हे फाटभुयेर अशो अ-समाजीक गजाली पातळावपी घटकांक हो उलो मारला. मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणीय अशा उपद्रवी अ-समाजीक घटकांक खर कारवायेची शिटकावणी दिल्या.

गदारी पुलीस मोहीम १००

गोंयांत वाडटे अपघात, आनी चड़ करून रातचे घडपी अपघात मतीत धरून येरादारीक शिस्त लागची म्हूण येरादारी पुलिसांनी खासा मोहीम हातांत घेतल्या. २२ ते २५ में ह्या चार दिसांत येरादारीचे नेम मोडपी गायडांच्या ४ हजार ८८५ चालकांक आनी मालकांक पुलिसांनी तालांव दिला. चडकरून रातचे वेळार गाड्यो चलयतल्यांक पुलिस आडावन तपासतात. तातूंत सोरो पियोवन गाडी चलोवप, हॅल्मॅट नासतना गाडी चलोवप. धोक्याच्या सुवातांनी पार्कींग, अती- वेगान गाडी चलोवप, गाडयेच्यो लायटी सारख्यो नासप, नो-ॲन्ट्रीत गाडी चलोवप, अशा गुन्यांवांचो आसपाव आसा. कारवाय केल्ल्या पांचेक हजार गुन्यांवांनी अशे तरेच्या ८७९ गुन्यांवांच्यो केशी आसात, अशी म्हायती येरादारी पोलीस अधिक्षक, आयपीएस, राहूल गुप्ता हरार्णी दिल्या.

कावी कार्यशाळा ८०

मडगांव रवींद्र भवन पांच दिसाची कावी कला कार्यशाळा घडोवन हाडटा. आज, २९ मे ते 2 जून मजगती ही कार्यशाळा जातली. रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हाणी कार्यशाळेची कार्यावळ खबराकारांक सांगली. गोयात सुमार ६०० वर्सा आदल्या कावी कलेच्या इतिहासाचो सोद लायला. गोंयच्या चीऱ्याच्या फातराचे तांबडे मातर्येत मेळपी तांबड्या रंगाचो वापर करून वेगवेगळ्या माध्यमांतल्यान

कावी कलेवरवीं वेगवेगळ्या संकल्पनांक कुशळटायेन हे कले वरवी अत्यक्षात हाडतात. कावीची सोबीत पुर्विल्ली कला ना जावपाचे वाटेर आसा. हे कलेचो प्रसार आनी प्रचार करपाच्या हेतान ही कावी कला कार्यशाळा जाता.

इसायीक प्रवेश १००

इजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी, आयुर्वेदिक ह्या पदवी वैवसायिक अभ्यासक्रमा खातीर म्हाविद्यालयांनी प्रवेश अर्ज करपाची मुजत 30 अम्य मेरेन वाडयल्या. आदी 24 में मेरेन ही मुजत आशिल्ली. ज्याणी अर्ज करूंक ना. तांणी 30 में मेरेन अर्ज करचे, अर्थ तांत्रिक शिक्षण खात्यान कळीत केला. वैजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी, आयुर्वेदीक, नर्सिंग ह्या वेवसायिक म्हाविद्यालय प्रवेशाची प्रक्रीया 13 मेसावन सुरु जाल्ली. दर वर्सा प्रमाण अंदुय तांत्रिक शिक्षण खात्यावरवी प्रवेश प्रक्रीया जातली. प्रवेशाची म्हायती पुस्तीका तांत्रिक शिक्षण खात्याचे संकेतथळाचेर आसा. प्रवेशाचे अर्ज भरून दिवंक 13 ममैच ते 24 मौन्य सांजे पांच मेरेन मुजत आशिल्ली. ही मुजत आता 30 में मेरेन वाडयल्या, प्रवेशा खातीर 3 हजारां परस चड अर्ज आयल्यात.

मडगांव सिव्हेज ९०

मडगांवां घाणयाऱ्या उदकाची जोडणी घेवंक नाशिल्ली आस्थापनां सील केल्यांत. मडगांव पालिका वाठारांतल्या ज्या हॉटेलांनी घाणयाऱ्या उदकाची जोडणी घेवंक ना ती आस्थापनां प्रशासनान एके कारवायेंत सील केली. सिव्हेज लायनीची पायपां घालपाचें काम अजूनय पुराय जावंक ना. जोडणे खातीर अर्ज केल्लो अशी बाजू सध्या हॉटेलाच्या धनयांनी मांडल्या. हॉटेलवाले कारवाय फाटीं घेवची म्हूण मागतात. सध्या मडगांवां घाणयाऱ्या उदकाचीं पायपां चालपार्चे काम चालू आसा. कांय आस्थापनांक जोडणी दिवपाक सुरवात जाल्या. मडगांवां सिव्हेज

गटारांतल्यान व्हांवता. सिव्हेज नावेलेच्या शेतांनी वता आनी साळ न्हंय घाण जाता. प्रकरण उच्च न्यायालयांत गेल्लें. न्यायालयान नगरपालिकेक पावलां उखलपाचे निर्देश दिल्ले.